# AakashVani Panaji Regional news 7.25 am 14th December 2025

## PARRIKAR

सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार हाणी आधुनिक गोंयची बुन्याद घाली. तांणी सुरू केल्लीं उदरगतीचीं कामां आमच्या सरकारान पुराय केली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. शेनवारा पर्रीकार हांच्या जयंती निमतान मिरामार हांगच्या स्मारकाचेर फुलां भेटोवन मुखेलमंत्र्यांनी आर्गा ओपली. हे वेळार प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक, उत्पल पर्रीकार आनी हेर वांगडी हाजीर आशिल्ले.भाजपा फुडारी मनोहर पर्रीकार हाणी नवे प्रकल्प सुरू केल्ले. काय प्रकल्प ते आसतानाच पुराय जाले. तांणी सुरू केल्लीं काय कामां हांवें पुराय केली अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. आयज आमी तांकां गोंय सरकारा वतीन आनी लोकां वतीन आर्गां ओंपतात.**byte**

**केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक**

स्व. पर्रीकार हांणी केल्लो वावर लोकांक सदांच याद उरतलो. मोपा विमानतळ, अटल सेतु सारके प्रकल्प गोंयांत हाडून गोंय आधुनीक केले, अशे प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी सांगलें. तांचो आदर्श घेवपाइतके ते व्हड व्यक्तीमहत्व आशिल्ले अशे भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणला.**byte**

जाल्यार खासदार तेजस्वी सुर्या हांणी सम्ती स्तलाचेर आरेगा ओपल्या उपरांत मनोहर प्रीकार गोयचे आधुनुकीकरण, वा बारताचे लश्कराचे मोडरनायजेशन तांची दुरदृस्टी आशिल्ले कर्मयोगी अशे फुडारी अशे म्हणला.Byte- tejasvi surya

---

## MHAJE GHAR

भाजप सरकारान 'म्हजें घर' येवजणे खाला घरा नांवार करपाक सुरवात केली. 2027 पयलीं चिंबलांतलीं सगळीं घरां नांवार जातली अशें आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिलें.जिल्हो पंचायत वेंचणुकेच्या प्रचारा निमतान इंदिरानगर- चिंबल

हांगा सभा जाली. हे सभेत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत उलयताले. हे वेळार आमदार रुडोल्फ फर्नांडीस, झेडपी उमेदवार गौरी कामत, चिंबलाचे सरपंच संदीप शिरोडकार आनी हेर पंच वांगडी हाजीर आशिल्लें.काँग्रेस सत्तेत आसतना चिंबला 20 कलमी आनी हावसिंग बोर्डाचीं घरां मोडपाची आशिल्ली. पूण तेन्नाची आमदार व्हिक्टोरीया फर्नांडीस (मामी) हांणी तांकां विरोध केलो आनी ती घरां वाटयली. आता आमदार रुडोल्फ फर्नांडीस भाजपात येवन म्हजे घर येवजणे खाला घरां वाटोवपा खातीर फुडे सरलां, अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हणले. 2027 च्या विधानसभा वेंचणुकेत लेगीत कमळाक मत मारात आनी जितली घरां अनियमित आसात ती सगळीं घरां नेमीत करून घेयात, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.

---

**SIR**

SIR सर्वेक्षणाउपरांत आता 1 लाख 78हडार मतदारांची नांवां मसुदो वळेरेतल्यान रद्द केल्यात. जाल्यार एस. आय. आर उपक्रमाअर्तंगत 10.84 लाख मतदारांचे मतदार वळेरीखातरीचे अर्ज एकठाय केल्यात असी म्हायती मुखेल वेंचणुक अधिकारी संजय गोयल हंणी आयज घेतिल्लया पत्रकार पीरशदेवेळार दिला.

---

हवामान 1५

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज पणजेत चडात चड तापमान ३3औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान १७ औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

---

**फिट इंडिया**

फिट इंडिया संडेज ऑन सायकल हो भारत सरकाराचो मुखेल उपक्रम फाल्या म्हणल्यारुच आयतरा गोंयांत आयोजित केला अशी म्हायती sports authority of

india चे उप संचालक मयांक  श्रीवास्तव हांणी पणजे घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या.

---------------------------------------------